1800 425 1199
1800 420 1199
+91 484 2630994/5 (NRI)
www.federalbank.co.in

FEDERAL BANK
YOUR PERFECT BANKING PARTNER

# म्हत्त्वपूर्ण म्हायती

**सायट आयडी: एफबीएएस……………**

**सायटीचें थळ: (मेट्रो/नॉन-मेट्रो)**

## हें करात

- रोख भायर येतकूच रोखीच्या खांचयेंतल्यान रोख काडून घेवची. रोख एटीएमांत परतून भितर वचची ना.
- अदीक सुरक्षीत करपा खातीर, पयलेच फावटीं पिन बदलचो.
- गिरायकांनी नेमान पिन बदलत रावचें.
- सायन करूंनाशिल्ल्या कार्डांचो गैरवापर टाळपा खातीर, कार्ड मेळ्ळ्या उपरांत रोखडेंच ताचेर सायन मारची.
- कसलीय मजत जाय पडल्यार, फांटो वेवस्थापक वा कॉल सेंटराकडेन संपर्क सादचो.
- कार्ड शेणल्याचें वा फारावल्याचें लक्षांत येतकूच गिरायकान ताकतिकेन कार्ड जारी करपी बँकेवांगडा संपर्क सादचो आनी तें कार्ड ब्लॉक करपाची विनवणी बँकेक करची.
- फांट्याक वा 1800 420 1199 / 1800 425 1199 (राष्ट्रीय टोल-फ्री), +91484 263 0994/5 (विदेशांतल्या गिरायकां खातीर) क्रमांकाचेर कॉल करून कार्ड शेणिल्याचें कळीत करचें. मोबायल बँकिंग वापरपी FedMobile > Card Management चेर लॉगीन करूंक शकतात.
- माकन दर्शयता तेन्ना खांचयेंतल्यान कार्ड काडून घेवचें.
- तुमचें कार्ड भितर घालचे पयलीं सदांच कसल्याय दुबावी संलग्नां खतीर एटीएम तपासून पळोवचें.
- तुमची उलाढाल सोंपल्या उपरांत एटीएमांतल्यान भायर सरचे पयलीं क्रम नाशिल्ले भोवविध क्रमांक दामचे.
- बँकेन धाडिल्ले उलाढाल संदेश आनी ईमेल कळोवण्यो तपासून पळोवचे आनी कसलीय दुबावी उलाढाल दिश्टी पडल्यार तत्काळ बँकेकडेन संपर्क सादचो.

## हें करूंनाकात

- रपिन आनी कार्ड वांगडा दवरूं नाकात.
- पिन कोणांयकडेन प्रकट करूंनाकात, बँक अधिकाऱ्यांकडेनूय.
- तुमचो पिन काडाचेर बरोवंनाकात.
- सोंपेपणान वळखुपाक येत असो पिन कार्डधारकान केन्नाच वापरूंक जायना
- एटीएम वेव्हारा खातीर हेरांकडेन कार्ड सोपोवंनाकात.
- विवरणपत्रां, शुल्क चिटयो आनी बँकेचीं पत्रां नश्ट केलेबगर तांचो विलो लावंनाकात.
- पंगडांनी एटीएम केबिनांत भितर सरूंनाकात.
- वेपारी थळाचेर, कार्ड तुमच्या नदरेभायर जावपाक दिवंनाकात.
- एटीएम वापरतना कसलेय तरेन मन गोंदळावपाक दिवंनाकात.
- एटीएम केबिना भितर सरतना हॅल्मेट / तोपी घालूंनाकात.

## चत्रायो

- एटीएम वेव्हार करतना जर कोणें 'मजत' दिवपाचो यत्न केल्यार ती घेवप टाळचें
- एटीएम माकन वा त्या वाठारांत कितेंय वेगळें आनी दुबावी हांचेपसून सादूर रावात, जशें कसलीय गडबड केल्याची वा जोडल्याची वा अतिरिक्त साधनां लायल्याची चिन्नां.
- वेळा-वेळार खात्याची विवरणपत्रां सत्यापीत करचीं.
- एटीएम कार्डाकडेन संबंदीत अयाचीत कॉल्स / ईमेल्स हांचेविशीं सादूर रावात.

## एटीएम वेव्हार शुल्क

1. फेडरल बँक एटीएम/डेबिट कार्डां - फेडरल बँक गिरायकांनी फेडरल बँक एटीएम/डेबिट कार्ड वापरून फेडरल बँक एटीएमांत केल्ल्यो सगल्यो अर्थीक आनी गैर-अर्थीक उलाढालीं विनामुल्य आसतल्यो.
2. हेर बँकांच्या कार्डांखातीर - भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या मार्गदर्शक तत्त्वांप्रमाण, बँकेक तिच्या बचत बँक खातेधारकांक, थारावीक उण्यांत उण्यो विनामुल्य उलाढाली करपाक दिवच्यो पडटात.

(तपशील पळोवपा खातीर https://www.federalbank.co.in/rates-and-charges चेर वचात)

## कागाळीचें आकाररूप

प्रति: फांटो वेवस्थापक

______________________________ [बँकेचें नांव]
______________________________ [फांट्याचें नांव]*
______________________________ [शाराचें नांव]

1. **गिरायकाची म्हायती:**

गिरायकाचें नांव :
खातें क्र. :
डेबिट कार्ड / एटीएम कार्ड क्र. :

2. **एटीएम म्हायती:**

एटीएम आयडी/ थळ, आयडी उपलब्ध नासत, :
जाल्यार एटीएम बँकेचें नांव :

3. **कागाळीचें स्वरूप**

a) **रोख विनिवर्तना संबंदांत कागाळ:**

विनिवर्तनाची विनवणी केल्ली रक्कम : [ ]
एटीएमांतल्यान प्रत्यक्षांत वितरीत जाल्ली रक्कम : [ ]
खात्यांतल्यान वजा जाल्ली रक्कम : [ ]
उलाढालीची तारीख : [ ] (mm/dd/yy)
उलाढालीची वेळ : [ ]

b) **एटीएमान कार्ड दवरून घेतले** : [ ]

c) **हेर कागाळी** :

तारीख: / / कार्ड धारकाचें हस्ताक्षर
संपर्का खातीर दूरध्वनी/मोबायल क्र.

*(एटीएम कार्डाकडेन जोडिल्लें कार्डधारकाचें खातें ज्या बँक फांट्यांत आसा, ताचें नांव)

## अपेशी एटीएम उलाढाली

एटीएमांतल्यान रोख वितरण वा अंशीक रोख वितरण आसपाविल्ल्या अपेशी एटीएम उलाढालींच्यो कागाळी एटीएम आशिल्ल्या सुवातेर वा कार्ड जारी करपी बँक फांट्यांत उपलब्ध निर्देशीत आकाररूपांत सादर करच्यो. कार्ड धारकान योग्य तरेन सायन केल्ली कागाळ, ताचें/तिचें खातें आशिल्ल्या, कार्ड जारी करपी बँक फांट्यांत सादर करपाची आसता.

अपेशी एटीएम उलाढालींच्या गिरायकांच्या कागाळीच्या निवारणा खातीर वेळाची मर्यादा, उलाढालीच्या तारखेपसून 5 कॅलेंडर दीस आसा.

गिरायकाच्या खात्यांत विवादीत रक्कम परतून मजा करपांत वा उलाढालीच्या तारखेपसून 5 कॅलेंडर दिसांभितर कागाळीचें निवारण करपांत जर कार्ड जारी करपी बँक अपेशी थारत, जाल्यार, कार्ड जारी करपी बँकेकडल्यान, 5 कॅलेंडर दिसा उपरांतल्या दिसापसून प्रभावी @ रु. 100/- प्रति दीस लुकसाणभरपायेचो हक्क गिरायकाक आसतलो.

आरबीआय निर्देशांप्रमाण, हेर बँकांच्या बचत खातेधारकांक प्रति म्हयनो परवानगी आशिल्ल्या 5 विनामुल्य एटीएम उलाढालींत सगल्या प्रकारच्या उलाढालींचो आसपाव आसतलो, अर्थीक वा गैर-अर्थीक.

एटीएम उलाढालींवयल्या सगल्या विवादांचो निर्णय जारी करपी बँक आनी प्राप्त करपी बँक हांचेकडल्यान फकत एटीएम प्रणाली पुरवणकर्त्याच्या माध्यमांतल्यान जातलो आनी विवाद निवारण यंत्रणेभायली, प्रणाली पुरवणकर्त्याकडेन उपलब्ध आशिल्ली, हेर खंयचीय दोवटीनची निर्णय वेवस्था वापरपाक परवानगी ना.

हेर बँकांचे गिरायक एटीएम विनिवर्तन करूंक शकतात ती रक्कम रु. 10,000/- प्रति उलाढालीमेरेन मर्यादीत आसा.

फेडरल बँकेच्या गिरायकांचे बाबतींत, जर पयशे मेळूंक नात, पुण खात्यांतल्यान वजा जाले, जाल्यार कृपा करून कॉल सेंटराकडेन **(1800-425-1199)** संपर्क सादचो वा ऑनलायन सेवांखातीर फेड-ई-पॉयंट सुविधा वापरची वा ऑफलायन सेवांखातीर फेडरल बँकेच्या तुमच्या फांट्याक भेंट दिवची.

## उपलब्ध सेवा

### एटीएम

1. रोख विनिवर्तन
2. बेगीन रोख (फास्ट कॅश)
3. शिल्लक चवकशी
4. पिन बदल
5. लघू विवरणपत्र - निमाण्यो पांच उलाढाली
6. कार्ड-ते-कार्ड (सी2सी) अंतरण
7. सॉफ्ट पिन सुविधा - तुमचो डेबिट कार्ड पिन सक्रीय / रीसॅट करपाक
8. मोबायल क्रमांक अद्ययावत करप
9. बँकें अंतर्गत निधी अंतरण
10. डेबिट कार्डावयल्यो मर्यादा सक्षम/अक्षम वा सुदारीत करप
11. धनादेश पुस्तिका (चेक बुक) विनवणी

## रोख माकन (एटीएम आनी सीडीएम)

**कार्यां:**

- कार्डाबगर रोख जमा
- कार्डाचेर आदारीत रोख जमा
- रोख विनिवर्तन (कार्डाचेर आदारीत)
- निधी अंतरण (कार्ड ते कार्ड आनी जोडिल्ल्या खात्यांनी)
- शिल्लक चवकशी, लघू विवरणपत्र, पिन बदल

**वैशिश्ट्यां:**

- रोख जमा करतना, एका वेळार चडांत चड 200 चलनी नोटी एके फावटीं जमा करपाक येतात.
- चालू आनी बचत (निवासी आनी अनिवासी सामान्य) खात्यांत रोख जमा करपाक परवानगी आसा.
- रीण आनी अनिवासी बाह्य खात्यांत रोख जमा करपाक परवानगी ना.
- रोख विनिवर्तन करतना, एके फावटीं चडांत चड 40 चलनी नोटी काडपाक येतात.
- रोख माकन रु. 100/-, रु. 200/- आनी रु. 500/- च्या चलनांत रोख स्विकारतले आनी वितरीत करतले.

## कागाळ निवारण

**पावंडो 1**

फेडरल बँक गिरायक
पयले फावटीं कागाळ सादर करतना
1800-425-1199/1800-420-1199 चेर आमच्या 24-वरां गिरायक सेवेक कॉल करचो
(वा)
तुमच्या फांट्याकडेन संपर्क सादचो
(वा)
हांगा भेंट दिवची: https://www.federalbank.co.in/grievance-redressal
हेर बँकेचे गिरायक
कृपा करून तुमचें खातें राखिल्लें आसा त्या बँकेच्या/बँकेच्या फांट्याच्या गिरायक सेवेक कॉल करचो

**पावंडो 2**

मेळिल्ल्या निवारणान जर तुमी खोस भोगनात, जाल्यार तुमी तुमचो हुसको वयल्या पावंड्यार पावतना
हांगा भेंट दिवंक शकतात: https://www.federalbank.co.in/grievance-redressal

**पावंडो 3**

तरीकूय जर तुमी मेळिल्ल्या जापेन धादोशी नात, जाल्यार तुमी हांगा बरोवंक शकतात: मुखेल नोडल अधिकारी, फेडरल बँक
हांगा भेंट दिवन: https://www.federalbank.co.in/grievance-redressal

**पावंडो 4**

तुमी जर निवारणाविशीं असमाधानी आसात वा, 30 दिसांपरस चड तेंप कागाळ निवारणाखातीर प्रलंबीत आसत, जाल्यार तुमी फुडें दिल्ल्या तपशिलां प्रमाण आरबीआय ओम्बड्समनालागीं वचूंक शकतात.

**आरबीआय संपर्क केंद्र** (सकाळीं 9:30 ते सांजे 5:15) - 14448 (टोल-फ्री क्रमांक)

**ऑनलायन पोर्टल:** ps://cms.rbi.org.in/

<table>
<tr><td colspan="2">गिरायक सेवा<br>टोल-फ्री: 1800 425 1199, 1800 420 1199<br>ईमेल: contact@federalbank.co.in</td></tr>
<tr><td>संपर्क बिंदू</td><td></td></tr>
<tr><td>कागाळ वाडोवन फुडें व्हरपाखातीर</td><td></td></tr>
</table>

## वापरप्यां खातीर मार्गदर्शक

1. तुमचें कार्ड एटीएमांत घालात
2. उलाढाल पुराय जायसर कार्ड टर्मिनला भितरूच दवरात
3. एटीएम स्क्रिनावयल्यो सुचोवण्यो पाळात
4. तशी सुचोवणी आयल्या उपरांतूच कार्ड काडचें
5. उलाढाल चालू आसतना फोर्सान कार्ड काडूंनाकात. तेन्ना ताचेवयलो चिप वाचपाखातीर तें एटीएमान धरिल्लें आसता. (हो एक सुपुल्लो मायक्रोचिप आसा, जो तुमच्या कार्डाभितर भरशिल्लो आसता. तुमच्या चिप डेबिट कार्डावयल्यो उलाढाली अदीक सुरक्षीत जावंच्यो, देखून तो गुपीत भाशेंत रुपांतरीत केल्लो आसता.)
6. तुमची रोख / कार्ड काडून घेयात.
7. .एटीएम सोडचें पयलीं कीपॅडाचेर 'कॅन्सल' दामात.

**वयल्यो सगल्यो सुचोवण्यो तुमच्या पसंतीच्या भाशेंत वाचपा खातीर सकयलो क्यूआर कोड स्कॅन करात.**

हिन्दी → ← ENGLISH

## सुरक्षीत रावात!

**फिशिंग ईमेल/एसएमएस हांचेपसून सादूर रावात. कोणांय वांगडा तुमच्या एटीएम कार्ड तपशील/पिन/ओटीपी/पासवर्ड सामायीक करूं नाकात.**

**तुमी सीसीटीव्ही पाळती खाला आसात**

*बरोवपा खातीर खोडून उडोवंक येता असलो मार्कर वापरचो.